**Panaji regional news**

**15.06.2025 7.20pm**

**100 प्रधानमंत्री**

तीन राश्ट्रांच्या भौंवडेच्या पयल्या लेगाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सायप्रसांत पावले. लार्नाका आंतरराश्ट्रीय विमानतळार सायप्रसाचो अध्यक्ष निकोस क्रिस्टोड्युलिडीस हाणें ताका येवकार दिलो. लेमेसोसांत दोनूय फुडाऱ्यां कडेन भारतीय आनी सायप्रस उद्देजकांक वेवसायीक गोलमेज मेळटलें. लेमेसोसांत भारतीय समाज आनी सायप्रस भौस प्रधानमंत्री मोदीक येवकार दिवपाची आतुरतेन वाट पळयतात. विद्यार्थी, वेवसायीक आनी भारतीय डायस्पोराचे वांगडी हे भेटेक दोनूय राश्ट्रां मदल्या वाडट्या इश्टागतींतलो एक म्हत्वाचो खीण म्हणून पळयतात. फाल्यां प्रधानमंत्री मोदी निकोसियांत राष्ट्राध्यक्ष क्रिस्टोड्युलिडीस हांचे कडेन औपचारीक द्विपक्षीय उलोवणी करतले. वेपार, गुंतवणूक, शिक्षण, डिजिटल सहकार, प्रादेशिक सुरक्षा अशा मुखेल वाठारांनी चर्चा करपाची अपेक्षा आसा. भारत-युरोपीय संघाची भागीदारी, भारत-मध्य उदेंत-युरोप अर्थीक मार्ग (आयएमईसी) सयत व्यापक आंतरराष्ट्रीय घडामोडीं विशींय फुडाऱ्यांनी मतांचो आदान-प्रदान करपाची शक्यताय आसा.

**सनातनाच्या आश्रमांत भेट**

गोंयचे राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे, पुरातत्व मंत्री सुभाष फलदेसाय, मयेचो आमदार प्रेमेंद्र शेत, वास्कोचो आमदार दाजी ऊर्फ कृष्णा सालकर आनी मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हांणी हालींच रामनाथींतल्या सनातनाच्या आश्रमांत सद्भावना भेट दिली. ह्या वेळार तांकां राष्ट्रधर्माच्या वावराची म्हायती

दिली, तशेंच सनातनाच्या आश्रमांत जावपी आध्यात्मिक संशोधनाची म्हायती दिली. ह्या वेळार सनातन संस्थेचे वेवस्थापकीय विश्वस्त श्री. विरेंद्र मराठे आनी संस्थाचे राष्ट्रीय प्रवक्ते श्री. चेतन राजहन्स , श्री. जयेश थाली, तशेंच हिंदू जनजागृति समितीचे राष्ट्रीय प्रवक्ते श्री. रमेश शिंदे  हाजीर आशिल्ले.सनातन संस्थेच्या आश्रमांतल्यान कितले काम करतात हाची   माहिती खासदार, मंत्री, आमदारांक दिली. मंत्री सुभाष फलदेसाय हांणी आपल्या ऊलोवपात, आश्रमांत खूब सकारात्मक स्पंदन जाणवता अशें म्हळे, सनातन संस्था शिकयता ती चरित्र दोश आनी अहंकार ना करपाची प्रक्रिया खूब बरी आसा." आश्रमाचें वेवस्थापन आनी नितळसाण उत्कृश्ट आसा अशें खासदार तनावाडे हांणी सांगलें. आमदार सळकार आनी आमोणकार हांणी "आपल्या मतदारसंघांत सनातनाच्या राष्ट्रीय आनी धर्मीक वावराची सेवा सदांच चालू दवरतले" अशें आश्वासन दिलें.

**महाराष्ट्रांत पुणे**

महाराष्ट्रांत पुणे लागसारच्या मावल तालुक्यांत आयज इंद्रायणी न्हंयचेर आशिल्लो पोरनो पूल कोसळ्ळो. सुमार 25 ते 30 पर्यटक हे न्हंयत बुडून गेल्ले आसूं येतात असो भंय आसा. तालेगांव दाभाडे शारा लागसार आशिल्ल्या कुंडमाला ह्या नामनेच्या पर्यटन थळार ही घडणूक घडली. आयतार आशिल्ल्यान ह्या वाठारांत व्हड प्रमाणांत पर्यटकांची गर्दी आशिल्ली. तातूंतले कांय जाण पुलाचेर उबे आसतना अचकीत तो कोसळ्ळो आनी जायते जाण सरळ न्हंयत पडले. मावल वाठारांत फाटल्या दोन दिसां सावन व्हड प्रमाणांत पावस पडटा. थळावें प्रशासन, उजो पालोवपी दळ, आनी राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दळ (एनडीआरएफ) थंय धांवून आयल्यात आनी सध्या परिस्थिती नियंत्रणांत हाडपा खातीर बचाव कार्यावळी सुरू आसात.

**दिवचल**

दिवचल नगरपालिका वाठारात रस्ताद गोरवांचो प्रश्न दिसानदीस गंभीर जायत आसा . हो प्रश्न सोडोवपाखातीर  दिवचल नगरपालिका संबंधित गोरवांच्या मालकांकडे मागता की तांणी आपापल्या गोरवांचो व्यवस्थित सांभाळ करचो त्याचप्रमाण रस्ताद गोरवां जर रस्त्याचेर तसेच बाजारात  दिसली तर तांकां आम्ही गोशाळेत वरतले अशी माहिती विजयकुमार नाटेकर हाणीं दिली . नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं सांगलें  की दिवचल नगरपालिका वाटारानीं आनि खास करून दिवचल बाजारात रस्त्याद गोरवांचो प्रश्न  गंभीर जायत आसा. बाजारात गोरवा भोंवता आणि ताचो त्रास व्यापारी तशेच नागरिकांक जाता. हो प्रश्न सुटावो कर पाखातीर नागरिकांकडे मागता की संबंधित गोरवां जर दिसली तर नगरपालिकेत कळवचे त्याप्रमाणे गोरवांच्या मालकांकडे मागतां तांणी गोरवांचो सांबाळ स्वतःच  करचो.  हाचे मुखार रस्त्यार गोरवां सापडली तर अशा रस्त्यात गोरवांक धरून आम्ही गोशाळेत घालतले असे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं सांगलें चांगले.

**साखळी**

साखळीनगरपालिका वाटारात नगरपालिकेच्या अधिकारात आणि मालकीच्या आशिल्ल्या मेकळ्या सुवातांनी  चडातचड नवी झाडां लायतले  अशी माहिती साखळेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणे सांगले . नगराध्यक्ष सिद्धी परोब हाणीं सांगले  नगरपालिका वाटारात नगरपालिकेच्या मालकीची काय मेकळी सुवात आसा.या सुवातांनी नगरपालिका तसेच हेर नागरिकांच्या सहकार्यान  चडांत चड नवी झाडां लायतले आणि त्यांची काळजी घेतले असे तांणी सांगले.

**कला आनी संस्कृती**

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या विविध येवजण्यांचो लाव घेवपाक अर्ज/शिफारस करपाची मुजत 30 जून 2025 मेरेन वाडयल्या. कलाकारांनी अर्ज

आनी अदीक म्हायती खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा संपर्क करचो. तशेंच सगळ्या येवजण्यांचे अर्ज आनी म्हायती खात्याच्या https://www.goa.gov.in/department/art-and-culture ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.संचालनालयाच्या येवजण्यांचो लाव घेवपाक हे पयली ज्या कलाकारांनी, पंगडांनी, व्यक्तिंनी आनी संस्थांनी अर्ज केल्ले, पुण तांचे अर्ज विचारात घेवक ना, अशां अर्जदारांनी नवीन अर्ज करचे, अशें संचालनालयान मागला. मजगती, कला सन्मान येवजणेचे अर्ज फकत ऑनलायन उपलब्ध आसात आनी ते खातीरhttps://goaonline.gov.in/Appln/UIL/deptServices?_DocId=AAC&_ServiceId=AA01 चेर भेट दिवची.

**110 आदिवासी**

आदिवासी कल्याण संचालनालयान 'भगवान बिर्सा मुंडा लक्ष्य सिद्धी येवजणे ' खातीर पात्र विद्यार्थ्यांकडच्यान अर्ज मागयल्यात. ह्या येवजणेखाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक नीट वा जेईई परीक्षेच्या तयारेच्या शिकवणेखातीर ११ वी १२वी विज्ञान यत्तेत शिकता आसताना ३ लाख रुपयांची अर्थीक मजत फावो जाता. ज्या विद्यार्थ्यांच्या पालकांचे वर्सुकी उत्पन्न ८ लाखांपरस उणे आसा तांका ह्या येवजणेचो १०० टक्के लाव मेळटलो जाल्यार ८ लाखांपरस चड उत्पन्न आशिल्यांक ७५ टक्के अर्थिक मजत मेळटली. नीट परीक्षे खातीर १५० विद्यार्थी आनी जेईई परीक्षे खातीर १५० विद्यार्थी अशा फकत ३०० पात्र विद्यार्थ्यांक ह्या येवजणेचो लाव मेळटलो. भगवान बिर्सा मुंडा लक्ष्य सिद्धी

येवजणेचे पुराय भरील्ले अर्ज १५ जुलै २०२५ मेरेन आदिवासी कल्याण संचालनालयात पावोवचे अशे ह्या विशींच्या खबरेंतल्यान कळीत केलां.

**फुटबोल**

बाणावलेच्या युनायटेड क्लबावतीन फाल्यासावन सुपर सोकर आंतरगांव फुटबोल सर्तीक सुरवात जातली.ही सर्त फाल्यां सावन बाणावलेच्या सेंट जोन दी बाप्तिस्त मैदानाचेर सुरू जातली.हे सर्तींत पेरीश युथ नुवें,सेंट एंथनी स्पोर्टस क्लब,कारमोणा स्पोर्टस् क्लब ,सी एक सी कासावली,वार्का स्पोर्टस् क्लब,नावेली विलेजर्स युनीयन,यु बी डी कोलवा, कुंकळ्ळी युनियन,यु एस सी सुरावली,स्पोर्टिंग क्लब दवर्ली,डोन बोस्को ओरेटरी,फातोड्डें, आनी यजमान युनायटेड क्लब बाणावली ह्या क्लबांच्या पंगडांचो आसपाव आसा.

**हवामान**

गोंयांत कालसावन उटंगाराच्या पावसान हाजेरी लायल्या.काल सकाळीं सावन आयज दीसभर दडकांनी पाशस शिवरला.पावसाक लागून कांय कडेन पडझड जावन लुकसाणेच्या घडणूकांची नोंद जाल्या.हवामान खात्यान गोंयांत १५आनी १६जुनाक उटंगाराच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण ह्या दोन दिसांखातीर ओरेंज एलर्ट जारी केला.गोंयांत १७ तें २०जून मेरेन मध्यम स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय आसा.हया चार दिसांखातीर एलो एलर्ट घोशीत केला.फुडल्ये स दीस गोंयांत चडांत चड तापमान २८ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेलसीयस आसपाची शक्यताय आसा.गोंयांत१ ते१४ जूनमेरेन सरासरी ११.५०इंच पावसाची नोंद जाल्या.इतले मजगतीं हवामान खात्यान उक्तायल्या अदमासा प्रमाण वारे वराक ४५ते६५ किलोमीटर चे गतीन व्हावपाचो अदमास आशिल्ल्यान नुस्तेमार्यानी दर्यार वचचें न्हय अशी खात्यान शिटकावणी दिल्या.